# तीन कविता

(1)

तुजे कुडीन रातराणी

फुल्ली जेन्ना राणी

परमळ गेला रानांवनां

तनमना उजो लायी

(2)

त्या पैडस पैडशिल्ल्या

म्हजो गांव

तुका लागुन आयलां हांगां

बदलुन म्हजें नांव

(3)

येता....... ?

...... यो

वेता....... ?

..... वच

येवपा - वचपा मदें ह्या

जालेंच जाल्यार

म्हाकाय भेटुन वच, फकत

एकटें..... एकदांच

■ बाळकृष्णजी कानोळकर



# पलतडच्या राया रे .....

पलचडच्या राया रे
साद म्हाका घाली नाका
आलतडी हांव रावतां
घेवन तुजीं सपन-सुखां


पलतडच्या राया रे ....

पलतडच्या राया रे
याद म्हजी काडी नाका
आलतडी हांव आसा
पळोंव नेजो जालें तुकां

पलतडच्या राया रे .....

पलतडच्या राया रे
पलतडीच तूं तुजो बरो
आलतडी येवशीत जाल्यार
तुकां कट्टीभर सोरो
पलतडच्या राया रे....

■ डॉ. बाळकृष्णाजी कानोळकार



# तूं आयलें ना



पुनवे राती चंद्र माथ्यार|जुयो झडयता
ओंवळ लेगीत फुलून झडली,
तूं आयलें ना
तूं आयलेंच ना
पुनवे राती दर्या हुंवार|तळप माड्डीता
माड लेगीत धोलून न्हिदलो
तूं आयलें ना
तूं आयलेंच ना
पुनवे राती|पुनवे राती
बावले कळे|फुल्ल्यो वाती
सासणाची|तुजीं म्हजीं
अशीं नातीं|पिशीं नातीं
तरीय लेगीत ना तें नाच
तुं आयलें ना
तुं आयलेंच ना

■ डॉ. बाळकृष्णाजी कानोळकार